5th January 2025 Morning Date: 8.40am

नमस्कार, आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज दिल्लींत 12,200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले.
- कुंभ मेला खातीर रेल्वे 13 हजार गाडयो चलयतली.
- उत्तर प्रदेश सरकार स्पेनांत जावपी आंतरराष्ट्रीय पर्यटन मेळाव्यांत महाकुंभ मेला 2025चो प्रचार करतले.
- फ्रांसाचें अणुऊर्जेचेर चलपी विमानवाहक जहाज चार्ल्स द गॉल काल नौदल सरावा खातीर गोंयांत पावलें.
- इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तींत भुभनेश्वरांतल्या कलिंग स्टेडियमाचेर एफसी गोवान ओडिशा एफसीचेर 4-2 अश्या फरकान जैत मेळयलें.

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज दिल्लींत 12,200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. साहिबाबाद आणि न्यू अशोक नगर मजगतीच्या सुमारे 4,600 कोटी रुपये खर्चाच्या दिल्ली-गाझियाबाद-मेरठ नमो भारत कॉरिडॉरच्या 13 किमी लांबीच्या रस्त्याचे प्रधानमंत्री उद्घाटन करतले. ते साहिबाबाद आरआरटीएस स्टेशन ते न्यू अशोक नगर आरआरटीएस स्टेशनपर्यंत नमो भारत ट्रेनिन प्रवास करतले. सुमारे 1,200 कोटी रुपया खर्चाच्या दिल्ली मेट्रो फेज-4 च्या जनकपुरी ते कृष्णा पार्क मजगतीच्या 2.8 किमी रस्त्याचे उद्घाटन मोदी करतले. ह्या नव्या मार्गाक लागून कृष्णा पार्क, विकासपुरी, जनकपुरी आनी अस्तंत दिल्लीच्या हेर कांय वाठारांचो फायदो जातलो. हाचे भायर प्रधानमंत्री मोदी दिल्ली मेट्रो फेज-4 च्या 26.5 किमी लांब रिताला-कुंडली विभागाचो बुन्याद घालतले, जाचेर सुमार 6,230 कोटी रुपया खर्च

येतलो. हो कॉरिडोर दिल्लींतल्या रिथलाक हरियाणांतल्या नाथूपूर-कुंडली कडेन जोडटलो.मोदी रोहिणी हांगा केंद्रीय आयुर्वेद संशोधन संस्थाचे नवे अत्याधुनीक इमारतीचोय बुन्याद घालतले.ह्या संकुलांत अत्याधुनीक भलायकी सेवा आनी वैजकी मुळावी सुविधा मेळटली. प्रकल्पाच्या उक्तावणाक लागून प्रादेशिक जोडणी वाडोवपाक आनी दिल्लीच्या लोकांचो प्रवास सुलभ जावपाक मदत जातली.

Railway Mahakumbh

कुंभ मेला खातीर रेल्वे 13 हजार गाडयो चलयतली. तातूंतल्यो 3 हजार स्पेशल रेल्वे आसतल्यो. महाकुंभांत हयो गाडयो 50 दिसां परस चड काळ चलतल्यो. तातूंत मेला उपरांत दोन-तीन दिसांचोय आस्पाव जाता. महाकुंभांत सुमार 40 कोटी लोक हाजीर रावपाची शक्यताय आसा.

उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांतलो महाकुंभ ह्या म्हयन्याचे 13 ते 26 फेब्रुवारी मेरेन चलतलो. गंगा, यमुना आनी सरस्वती न्हंयांच्या संगमाखातीर प्रयागराज प्रसिध्द आसा.

Ashwini Vaishnaw

नागरिकांच्या डेटाची आनी तांच्या हक्कांची राखण करपा खातीर डिजिटल वैयक्तिक डेटा संरक्षण नेम-2025 च्या मसुद्यांत तरतुदी केल्यात अशें केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. आकाशवाणी न्यूजाक दिल्ले खाशेली मुलाखतींत श्री वैष्णव हांणी नेमाच्या मसुद्याचे तीन मुखेल घटक आसात अशें सांगलें. तातूंत नागरिकांचो वैयक्तीक डेटा राखपाची तरतूद, लहान भुरग्यांक संभाव्य डिजिटल जोखीम टाळपाखातीर उपाययोजना आनी नागरिकांक तांच्या हक्कांचो सहज वापर करपाक मेळचो अश्या तरतुदींचो आसपावीत आसा. हे नेम वेव्हारीक आनी संतुलित आसात अशें वैष्णव हांणी सांगलें. वैष्णव हांणी सांगलें, डिजिटल तंत्रगिन्यान देशांतलो एक मुखेल भाग जाला आनी अर्थवेवस्थेंत ताची म्हत्वाची भुमिका आसा. फाटल्या वर्सा नोव्हेंबरांत डिजिटल पर्सनल डेटा संरक्षण कायदो संमत जाले उपरांत तो चालीक लावपा खातीर डिजिटल चौकटी तयार केल्या अशें तांणी सांगलें. बरोच वेळ वाट पळयल्या उपरांत आतां ह्या कायद्या खाला नेमाची अधिसुचोवणी

जाल्या अशें तांणी सांगलें. डिजिटल माध्यमांतल्यान हो कायदो पुरायपणान चालीक लावपाक मेळटलो अशें श्री वैष्णव हांणी सांगलें.

HEALTH MINISTRY - CHINA FLU

फाटल्या कांय सप्तकांत चीनांत श्वसन संबंधित दुयेंसांच्यो वाडटयो दुयेंती पळोवन काल केंद्रीय भलायकी मंत्रालयान संयुक्त निरिक्षण गटाची बसका आपयली. नवी दिल्लींतल्या भलायकी सेवा महासंचालकांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले हे बसकेंत संवसारीक भलायकी संघटना, आपत्ती वेवस्थापन कक्ष, एकत्रीत रोग निरिक्षण कार्यावळ, राष्ट्रीय रोग नियंत्रण केंद्र, भारतीय वैजकी संशोधन मंडळ, आपत्कालीन वैजकी मदत विभाग आनी हॉस्पिटलांनी काम करपी तज्ञांचो आस्पाव आशिल्लो. सविस्तर चर्चा केल्याउपरांत आणि सध्या उपलब्ध आशिल्ल्या माहितीच्या आधारे, हे मान्य केले की सध्या फ्लूचो हंगाम पळयत जाल्यार चीनातली परिस्थिती असामान्य ना. मंत्रालयान एका निवेदनात म्हळां की ते सगळ्या उपलब्ध माध्यमां वरवीं चीनातल्या परिस्थितीचे बारकाईन निरीक्षण करता आणि जागतिक आरोग्य संघटनेक परिस्थितीबाबत वेळार अद्ययावत म्हायती सामायिक करपाची विनंती केल्या.

INDIA - FRANCE – VARUNA

फ्रांसाचें अणुऊर्जेचेर चलपी विमानवाहक जहाज चार्ल्स द गॉल काल नौदल सरावा खातीर गोंयांत पावलें. काल गोंयच्या मोरमुगांव पोर्ट ट्रस्ट जेटीचेर पावतकच फ्रेंच कॅरियर स्ट्रायक गटाक भारतीय नौदलाच्या पंगडान  येवकार दिलो. ह्या ४२ व्या वार्षिक सरावात फ्रान्सचे राफेल हे युद्ध विमानूय सहभागी जातले.  वेस्टर्न कमांडच्या म्हणण्याप्रमाण या सरावाकी लागून दोनूय  देशांच्या नौदलांमदि एकठांय काम करपाची समजूत घट जातली. फ्रांस 2008 सावन भारत-पॅसिफिक नौदल सिम्पोजियमचो वांगडी आसा.

OMKARESHWAR SOLAR PROJECT

केंद्रीय गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण, नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रहलाद जोशी हांणी काल मध्य प्रदेशांतल्या खंडवा जिल्ह्यांतल्या ओंकारेश्वर फ्लोटिंग सोलर प्रकल्पाची पळोवणी केली. ओंकारेश्वर फ्लोटिंग सौर

प्रकल्प हो मध्य प्रदेशांतलो पयलो आनी देशांतलो एक व्हड फ्लोटिंग सौर प्रकल्प.

ह्या वेळार केंद्रीय उर्जा मंत्री श्री जोशी हांणी सांगलें की हो एक आगळोच प्रकल्प आसा आनी तो देशांतल्या जायत्या सुवातींनी करूं येता. देशांत ह्या क्षेत्रांत 90 जीडब्ल्यू क्षमता आसा आनी ताका चालना दिवपा खातीर पुराय यत्न जातले अशें तांणी मुखार सांगलें. 2030 पर्यंत 500 GW आणि 2047 पर्यंत 1800 GW वीज निर्मितीचे भारत सरकारचे लक्ष्य आशिल्ल्याची माहिती तांणी दिली. या क्षेत्रात सातत्यान काम सुरू आशिल्ल्याचे तांणी सांगले.

TELANGANA - LAND ASSISTANCE

तेलंगणाचे मुख्यमंत्री ए रेवंत रेड्डी हांणी रायथू भरोसा येवजणे खाला वर्साक शेतकी जमीनिखातीर दर एकराक 12 हजार रुपया दिवपाचो राज्य मंत्रीमंडळाचो निर्णय जाहीर केला. तशेंच Indiramma Aatmeeya Bharosa scheme ह्या प्रस्तावीत येवजणे खाला जमनी नाशिल्ल्या शेतकी कुटुंबांक वर्साक 12 हजार रुपया दिवपाची घोशणा केली. 2023 वर्सा जाल्ले विधानसभा वेंचणुके आदीं रायथू भरोसा येवजणे खाला शेतकारांक अर्थीक आदार वाडोवपाचें आनी जमनी नाशिल्ल्या शेतकी मजुरांक अर्थीक मजत दिवपाचें उतर काँग्रेस पक्षान दिल्लें. काल रातीं हैदराबादांत राज्य मंत्रीमंडळाच्या निर्णयां विशीं मिडियाक म्हायती दितना ज्या पात्र लावार्थ्यां कडेन रेशन कार्ड ना तांका नवे रेशन कार्ड दितले अशें जाहीर केलें. ह्या म्हयन्याच्या 26 तारखे सावन ह्यो तीन येवजण्यो चालीक लायतले अशें तांणी सांगलें.

ISL

इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तींत काल रातीं जेआरडी टाटा स्पोर्ट्स कॉम्प्लेक्सांत जमशेदपूर एफसीन बेंगळुरू एफसीक 2-1 अश्या फरकान हारयलो. बेंगळुरू एफसीन सुरुवातेकआघाडी घेतली, अल्बर्टो नोगुएराने १९व्या मिनिटाक गोल केलो. मात्र, जॉर्डन मरेने 84व्या मिनिटाक बरोबरी साधून मुहम्मद उवैसच्या स्ट्राईकसह जमशेदपूराक घरच्या मैदानार सेगीत चौथे जैत मेळोवन दिले. ताचे आदीं काल सांजवेळा भुभनेश्वरांतल्या कलिंग स्टेडियमाचेर एफसी गोवान ओडिशा एफसीचेर 4-2 अश्या फरकान जैत मेळयलें. गोंया खातीर ब्रिसन

फर्नांडीसन  दोन आनी उदंता सिंग आनी अमेय रानावाडे हांणी दरेकीं एक गोल केलो.

आयज ह्या सर्तींत पंजाब एफसी आनी केरल ब्लास्टर्स एफसी आड दिल्लीच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत, सांजवेळार मॅच जातली. ही मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरू जातली. सध्या पंजाब 12 मॅचींतल्यान 18 गूण मेळोवन 8वे सुवातेर आसा, जाल्यार केरळ 14 खेळांतल्यान 14 गूण मेळोवन 12वे सुवातेर बसला.